# अटल निर्णय- गोवा कोडस् 2026 सर्ती वरवीं गोंयच्या हरित उपक्रमाच्या चळवळीक उर्बा

ता. 23 फेब्रुवारी 2026

"अटल निर्णय - गोवा कोडस् 2026 " ही सर्त राज्यासामकार आशिल्ल्या गंभीर पर्यावरणीय आव्हानांक , खास करून प्रदूशण आनी कोयर वेवस्थापना कडेन संबंदीत प्रस्न सोडोवपाक तयार केल्ली आसा. निर्णय हे उतर जाचो, अर्थ "निर्णय" असो आसा आनी तो ह्या मूळ तत्वज्ञानाचे प्रतिबिंब आसा आनी अर्थपूर्ण बदल वैयक्तिक पांवड्यार जापसालदारकी आनी जाणीवपूर्वक निर्णयांनी सुरू जाता.

ही सर्त यत्ता 6 वी ते 9 वीच्या विद्यार्थ्यांक इनोव्हेशन, तंत्रज्ञान, जागरूकताय आनी सामुदायिक सहभागा वरवीं पर्यावरणीय परिवर्तनात सक्रिय सहभागी जावपाक सक्षम करता. सर्तीचो पयलो टप्पो- शालेय पांवड्यार निवड फेरी वरवीं 2 फेब्रुवारी 2026 दिसा संस्था प्रमुखां खातीरच्या राज्यव्यापी दिशानिदेशन सत्रां वरवीं सुरू जाली. ही सर्त 28 दिसांचे आव्हान म्हूण तयार केल्या, जी एका दिसाच्या उपक्रमां बदला सेगीत सहभागाक प्रोत्साहन दिता.

सातत्यान कोयर वर्गीकरणाची पद्धत रुजोवप, दीर्घकाळाच्या पर्यावरणीय जबाबदारीक प्रोत्साहन दिवप, घर, शाळा आनी सामुदायिक पांवड्यार सतत जागरूकताय निर्माण करप आनी जबाबदारी आनी नितळसाणीची संस्कृती निर्माण करपाची सवय निर्माण करपा खातीर सुमार 21 दीस लागतात. ह्या सर्तीचो भर न्हय फकत उपक्रम आयोजीत करपाचेर, जाल्यार कायमस्वरूपी पर्यावरणीय मूल्यां आनी सवय लवन घेवपाचेर आसा. स्मार्ट वेस्ट सोल्यूशन चॅलेंज (इको-टेक ॲडव्हान्समेंट), कोयर जागरूकताय मोहीम – घरासावन समुदाया मेरेन, नितळ गोंय कृती मोहीम, डिजिटल जागरूकताय मोहीम आनी अभ्यास आनी दस्तऐवजीकरण, अशां पाच उपक्रमां वरवीं ही सर्त पर्यावरण जागरूकताय, रोबोटिक्स, इनोव्हेशन आनी समुदायिक सहभाग वाडयता. ह्या उपक्रमां वरवीं विद्यार्थी कोयर वेवस्थापनाची खरी समस्या जाणून घेतात, नाविन्यपूर्ण मॉडेल आनी प्रोटोटाइप विकसित करतात, जागरूकताय मोहिमो राबयतात, थळाव्या समुदायां कडेन संवाद साधतात आनी पर्यावरणीय परिणाम दस्तऐवजीकरण करतात.

“अटल निर्णय – गोवा कोड 2026” हो उपक्रम मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या राज्यांत कोयराची समस्या कमी करप आनी पर्यावरण वेवस्थापन प्रणाली मजबूत करपाच्या प्रयत्नां कडेन सुसंगत आसा, जो कोयरमुक्त गोंय करपाक योगदान दिता. राष्ट्रीय पांवड्यार लेगीत प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदी हांच्या स्वच्छ भारत, शाश्वत विकास, जबाबदार नागरिकत्व आनी युवा-संचलीत इनोव्हेशनाचेर भर दिता. गोंय सरकारच्या तंत्रशिक्षण संचालनालयाच्या CARES येवजणे खाला आनी गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाच्या (GWMC) सहकार्यान ही सर्त आयोजीत केल्या. राज्यभरातल्या शाळां मदल्यान वट्ट 688 पंगडानी ह्या सर्ती खातीर नोंदणी केल्या.

ह्या सर्तीत सक्रिय सहभागाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर सर्ती खातीर आकर्षक रोख इनामां जाहीर केल्यात. राज्य पांवड्यार जैतिवंत पंगडांक पयले इनाम 50,000/-रूपया,

दुसरे इनाम 40,000/- रूपया, तिसरे इनाम 30, 000/- रूपया दितले. विशेश प्रयत्नांक मान्यताय दिवपा खातीर दर एकी 10,000/- रूपयांची उमेद वाडोवपी इनामां दितले. तशेंच तालुका पांवड्यार जैतिवंत पंगडांक अनुक्रमे 8,000/- आनी 6,000/- रूपया इनाम दितले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/135

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.